आकाशवाणी पणजी केंद्राच्या

Date : 23/03/2025

राष्ट्रीय खबरो

6.30 PM

प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांणी हालींच एआय संशोधक आनी पॉडकास्टर लेक्स फ्रीडमन हांचे वांगडा केल्लो पॉडकास्ट आतां जायत्या भाशांनी उपलब्ध आसा. हो संवाद चडानचड प्रेक्षकां मेरेन सुलभतायेन पावप हो हेतू आसा आशे सोशल मिडियाचेर केल्ल्या पोस्टांत श्री मोदी हांणी म्हळा .

संवसारांतली पांचवी व्हडली अर्थवेवस्था आशिल्य भारतान व्यापक आनी विविधताय आशिल्ले उर्जे संबंद स्थापन करपाक जाय अशें विदेश वेव्हर मंत्री डॉ एस जयशंकर हांणी सांगलां. दशकां सावन जागतीकीकरणाचो लाव जावान लेगित आयज संवसार उद्देगीक धोरणां, निर्गत नियंत्रण आनी दरावीशी झुजांआड झगडटा अशें जयशंकर हांणी सांगलें. फुडल्या दशकां खातीर उर्जेचें अनुकूल वातावरण सुनिश्चीत करप हें भारताचें एक मुखेल राजनयिक ध्येय आसाहाचेर ताणी भर दिलो. सबका साथ सबका विकासाची संकल्पना आमचे विदेश धोरणाकय जोडिल्ली आसा अशें तांणी मुखार सांगलें.

भारतीय स्वातंत्र्यझुजातल्या तीन सुटकेझुजारी - भगतसिंह, राजगुरू आनी सुखदेव हाणी देशांखातिर दिल्या बलिदानक राष्ट्र आयज आर्गां ओपता . १९३१ वर्सा आयच्या दिसा ह्या धाडसी सुटके झुजाऱ्यांक लाहोरच्या बंदखणींत ब्रिटीश पुलीस अधिकारी जे.पी. सॉडर्साचेर खून प्रकरणांत खटलो चलोवन मरणाची ख्यास्त फर्मायली.

समाजीक न्यायाचो समर्थक आनी सुटके झुजारी डॉ. राम मनोहर लोहिया हांची आयज जयंती. ते निमतान प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांणी लोहियाक आर्गां आपल्यात. लोहिया एक दूरदर्शी फुडारी आशिल्ल ताणी वंचितांक सशक्त करपाक आनी सक्षम भारत उबारपाक आपलें जिवीत ओंपलें अशें प्रधानमंत्री मोदी हाणी सोशल मिडियाचेरकेल्या पोस्टांत म्हळा.

आयज संवसारीक हवामान दीस . हवामान बदलाचो अभ्यास आनी जागृताय वाडोवपा खातीर दर वर्सा 23 मार्चाक हो दीस मनयतात.  संवसारीक हवामान संघटना 23 मार्च 1950 दिसा स्थापन जाल्ली आनी 1961 वर्सा सावन हो दीस मनयतात.

सिनेमानी आंमका वेगवेगळ्या संवसारनी व्हरपाची ताक आसा दर एक सिनेमा फाटल्यान विक्रेता निर्मातो कलाकार हांचो तांची संकल्पना विचार वा दूरदृष्टीक योग्य माची फावो करून जगामुखर हडपंचो हो एक प्रवास आसा वेव्स बाजारतल्यान वैश्विक e मार्केटवरवी चित्रपट निर्मात्यांक सशक्त जावपाक उर्ब दित तुमचेकडेन आशीलले सवहीतेवरवी फिल्म वा प्रकल्पा वरवी वेव्स बाजार तुमची थेट जोडणी जगभरच्या विक्रेता निर्मातो तशेच कार्यावळ आयोजकांकडेन करता. वैयक्तिक सवाण बिग ब् जेट प्रॉडक्शन मेरेन वेव्स बाजार तुमका माची उपलब्ध करोन दित. तुमी तुमचे शॉर्ट फिल्म डॉक्युमेंटरी आनी feature फिल्म वा वेबसेरीज वैश्विक पांवदयार पावपाक ही एक सद आसा. तेखातीर वेव्स बाजार डॉट कॉम ह्या थळार नोंदणी करची आशे आवाहन नामनेचे अभिनेता अनुपम खेर हाणी केला.

छत्तीसगढांतल्या सुकमा जिल्ह्यांत माओवादी लिपपाच्या सुवातींनी पुलिसांनी शस्त्रां आनी स्फोटक चो सांठो जप्त केला.  पुलिसांक हे विशीं म्हायती मेळ्ळी तेन्ना तांणी सुरक्षा दळांच्या आदारान मार्कांगुडा गांवा लागसारच्या दोंगुल्लेचेर रानांत लिपोवन दवरिल्ल्या शस्त्रांचो सांठो जप्त केलो.  हे कारवायेंत  केंद्रीय राखीव पुलीस दळ  आनी कमांडो हांचो आस्पाव आशी ल्लो.  गस्त घालपी सुरक्षा दळाच्या युनिटांचेर हल्लो करपाच्या हेतान माओवाद्यांनी हो सांठो लिपोवन दवरला अशी म्हायती सूत्रांनी दिल्या. छत्तीसगढच्या बीजापूर जिल्ह्यांत आयज 22 नक्सली शरण आयल्यात.हातूंत दोन बायलो नक्सलीय आसात

भारतांत बरोच तेंप उपलब्ध आशिल्लो गोळी सोडा आतां संवसारभर नवो पॉप सोडा म्हणून वळखूंक मेळटलो अशें कृशी आनी प्रक्रिया अन्न उदरगत प्राधिकरणान सांगलां.  हें पेय संवसारीक पांवड्यार लोकप्रिय आसा आनी ताच्या नवनिर्मणेक लागून गिरायकांक आकर्शीत करपाक लागलां. अमेरिका ब्रिटन हेर युरोपीय देश आनी आखाती देशांनी ह्या पेयाची मागणी वाडत आसा अशें केंद्रीय वाणिज्य आनी उद्देग मंत्रालयाच्या एका निवेदनांत म्हळा .

राष्ट्रीय स्वयंसेवक संघाचे स्थापणूकेक अंदूं शंबर वर्सां पुराय जाता ते निमतान जायत्या कार्यावळीं आंखल्या अशी म्हायती आरएसएसचे मुखेल सचिव दत्तात्रेय होसबाले हांणी दिली. आयज बेंगळुरूंत जाल्या संघाचे अखिल भारतीय प्रतिनिधी सभेच्या राश्ट्रीय बसके वेळार ते उलयताले. औपचारीक उत्सव जावचो ना पुण अंदूं विजयदशमीच्या स्थापणूक दिसा वेगवेगळ्यो कार्यावळीं सुरू करतले अशें तांणी सांगलें.  ह्या कार्यावळींनी समाजाच्या कल्याणा खातीर वेगवेगळ्या उपक्रमांनी समाजीक सहभाग वाडवपाचो यत्न करतले अशें तांणी मुखर सांगलें.

नवी दिल्लींतल्या डॉ.कर्णी सिंग शूटिंग रेंजांतचालू आशिल्य खेलो इंडिया पॅरा गेम्सा शूटिंग सर्तीत आयज सागर कटाले हांणी 10 एम एअर रायफल प्रोन मिक्स्ड विभागांत भांगरा पदक जिखलां. मोना अग्रवाल हिणे रुप्या पदक, जाल्यार दीपक सैनी हांणी कांश्या पदक जिखल

मजगतीं, जेएलएन स्टेडियमांत पॅरा आर्चरीची सतीत शीतल देवी हिणे  बायलांच्या कंपाउंड विभागांत भांगरा पदक मेळयलें,

इतल्यान ह्या राष्ट्रीय खबरो सोपल्या.  आकाशवाणी पणजीचे मुखावेले राष्ट्रीय खबरापत्र तुमका आयकुक मेळटले फाल्या सकाळी आठ जावण चाळीस मिंनटाचेर  नमस्कार